**मुख्यमंत्र्यांच्या हाजिरीत प्रुडंट मिडियाचो इंडिया अहेडा वांगडा मजकूर शॅर करपाचो करार**

ता. ६ नोव्हेंबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हाजिरीत आयज प्रुडंट मिडियान इंडिया अहेडा वांगडा मजकूर शॅर करपाचो करार केलो. ह्या कार्यक्रमा वरवीं प्रुडंट मिडियान ह्या सोबीत राज्याची म्हायती राष्ट्रीय माचयेर प्रदर्शीत करपा बाबतीत एक पावल फुडें मारला.

ह्या वेळार कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे, प्रुडंट मिडियाचे संपादक श्री. प्रमोद आचार्य, इंडिया अहेडाचे मुख्य संपादक आनी सहमालक श्री. भुपेंद्र च्यौबे, इंडिया अहेडाचे वेवस्थापकीय संपादक श्री. गौतम मुथा, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. सुधिर केरकर हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान दोनीय माध्यमांचे अभिनंदन करून ह्या कार्यक्रमा वरवीं राज्य सरकाराची प्रगती आनी राज्याविशीं सकारात्मक गजाली राष्ट्रीय पांवड्याचेर दाखोवप शक्य जातले. ह्या कराराक लागून पर्यटन मळार आनीक वाव मेळटलो. तशेंच राज्यांतल्या खेळगड्यांची राष्ट्रीय पांवड्यार वळख निर्माण जावपाक मदत जातली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

मुख्यमंत्र्यान मिडिया आस्थापनांक गोंय हे आदर्श वेवसाय केंद्र म्हुण प्रचार करपाक सांगले. गोंयांत वेवसाय सुरू करपाक सोपेपणी सोयिसुविधां उपलब्ध करून रोजगाराच्यो संदी निर्माण करपा खातीर सरकाराचे प्रयत्न आसा, अशेंय तांणी सांगले.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी पत्रकारीता आनी भौसामदीं बरे नाते आसपाची गरज उकतावन पत्रकारीता राज्यांतल्या लोकांक सरकारा वांगडा जोडटा असें सांगले. ह्या कार्यक्रमा वरवीं गोंयची कला आनी संस्कृती राष्ट्रीय माचयेर पावतली , अशेंय तांणी म्हणले.

प्रुडंट मिडियाचे संपादक श्री. प्रमोद आचार्य, इंडिया अहेडाचे मुख्य संपादक आनी सहमालक श्री. भुपेंद्र च्यौबे, इंडिया अहेडाचे वेवस्थापकीय संपादक श्री. गौतम मुथा हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

श्री. जॉय लुईस आनी श्री. अर्जुन पांड्ये हांणी कार्यावळीचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/658

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa